# मॉन्सूनपूर्व तयारीचो बसकेत नियाळ

ता. 17 मे 2024

महसूल सचीव आनी राज्य आपत्ती वेवस्थापन प्राधिकरणाचे अध्यक्ष श्री संदीप जॅकीस हांणी आयज पर्वरे सचिवालयांत सरकारी खात्यांच्या अधिका-यांची बसका घेवन मान्सूनपूर्व तयारीच्या कामांचो आनी उपाय येवजणांचो नियाळ घेतलो. मॉन्सून हंगामात साबार आव्हानांक तोंड दिवचे पडटा. अशी आव्हानां कमी करपा खातीर संबंदीत यंत्रणांनी वेळार उपाय आनी तयारी करपाची गरज आसा.

ह्या वर्सा मॉन्सूनाच्या काळांत गोंयांत चड आनी नेटाचो पावस पडपाचो अदमास भारतीय हवामान खात्यान उक्तायला आनी त्या खातीर निर्माण जावपी कसल्याय आपत्कालीन परिस्थितीक तोंड दिवपा खातीर संबंदीत यंत्रणांनी तयार रावपाची गरज महसूल सचीवानी उक्तायली. कसल्याय आपत्तीच्या वेळार जीव तशेंच मालमत्ता वाचोवपा खातीर कर्मचाऱ्यांक आवश्यक प्रशिक्षण दिवन तयार दवरपाची गरज आसा, अशें तांणी सांगलें.

श्री जॅकीस हांणी मुंबय शारांत होर्डिंग कोसळून साबार लोकांक मरण आयिल्ल्या घडणूकेचो उल्लेख करून अशो घडणूको टाळपा खातीर संबंदीत अधिकाऱ्यांनी उपाय करपाची गरज उक्तायली. मॉन्सूनात पूर येवप, झाडां पडप, पालसणां कोसळवप ह्या सारख्या सैमीक आपत्तीच्यो घडणूको घडटात. ते खातीर आपत्ती वेवस्थापन यंत्रणांनी 24X7 अशा तरेन सक्रिय रावपाक जाय.

दोनीय जिल्ह्यांनी आपत्ती वेवस्थापन नियंत्रण कक्ष स्थापन केल्ले आसात. श्री जॅकीस हांणी SACHET मोबाइल ॲप सुरू करपाचीय सूचोवणी केली.

बसकेत नियंत्रण कक्षांचे कामकाज, पूर येवपाचे आनी पालसणां कोसळपाचे वाठांर, आपत्तीच्या वेळार स्थलांतरण येवजण आनी स्मार्ट सिटीच्या कामांविशीं चर्चा जाली.

अतिरिक्त जिल्हाधिकारी श्री सुरेंद्र नाईक आनी हेर अधिकारी बसकेक हजर आशिल्ले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/217

---

Issued by the Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,Panaji – Goa.